# <u>गोंयची स्वयंपुर्णतेकडेन वाटचाल-मुख्यमंत्री</u>

ता. ९ जुलय 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयांक स्वयंपुर्ण करपा खातीर सरकारी अधिकाऱ्यांनी परिश्रम घेवपाची गरज उकतावन गोंय स्वयंपुर्णतेच्या मार्गान योग्य वाटचाल करता म्हणपाचे सांगले.

मुख्यमंत्री आयज पर्वरे सचिवालयांत नवीन नियुक्त केल्ले स्वयंपुर्ण मित्र आनी स्वयंपुर्ण सेवकांक मार्गदर्शन करपाखातीर आयोजीत कार्यक्रमात उलयताले.

मुखेल सचीव श्री. परिमल राय, श्री. अशोक कुमार, आयएएस, श्री. पुनित कुमार गोयल, आयएएस आनी हेर सरकारी सचीव ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

सरकारान ग्रामीण तशेंच शारी वाठारांत स्वयंपुर्ण मित्रांची नेमणूक केल्ली आसून ते ग्रामपंचायतींनी भेट दिवन थळाव्या लोकप्रतिनिधींक आनी लोकांक सरकाराच्या वेगवेगळ्यां येवजणांची म्हायती दिवन लोकांक येवजणांचो लाव घेवन आत्मनिर्भर जावपाक उर्बा दितात म्हणपाचे मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

कृशी खातें, जनावरां सांबळ, नुस्तेमारी, समाज कल्याण, आदीवासी कल्याण, ग्रामीण विकास, कुशळटाय विकास, पंचायत, उद्देग, भलायकी, हस्तकला आनी हेर खात्यांच्या अधिकाऱ्यांनी आपल्या खात्यांच्या येवजणांची म्हायती करून दिली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/584

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji